# राष्ट्रीय ध्रुवीय आनी महासागर संशोधन केंद्राचो स्थापणूक दीस सुवाळो

ता. 1 एप्रिल 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 3 एप्रिल 2025 दिसा राष्ट्रीय ध्रुवीय आनी महासागर संशोधन केंद्राच्या रूप्या महोत्सवी सुवाळ्याचें उक्तावण करतले.

ह्या सुवाळ्यात ध्रुवीय आनी महासागर विज्ञान प्रदर्शन, भारतातल्या पयल्या ध्रुवीय आनी महासागर संग्रहालयाचो आभासी प्रवास आनी भारताच्या अंटार्क्टिक प्रवासा वयल्या फिलाटेलिक कॅटलॉगचे प्रकाशन कार्यक्रमाचो आस्पाव आसा.

सातवी समिट चॅलेंज पूर्ण करपी सगळ्यांत तरणाटी बायल काम्या कार्तिकेयन हांचे एक संवादात्मक सत्र जातले. 4 एप्रिल 2025 दिसा तज्ञांची व्याख्यानां आनी अणभव सादरीकरण जातले. प्रदर्शन 4 आनी 5 एप्रिल 2025 दिसा सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.30 मेरेन लोकांखातीर उकतें आसतले. 5 एप्रिल दिसा नामनेचे अंटार्क्टिक हिमनदीशास्त्रज्ञ डॉ. केनी मात्सुओका हांच्या "फॉर्मोन्स फ्रोझन फ्रंटियर्स अँड राइजिंग ओशन्स" ह्या विशयाचेर व्याख्यान जातले.

भारतातले राष्ट्रीय ध्रुवीय आनी महासागर संशोधन केंद्र हेडलँड सडा वास्को हांगा आसून हे केंद्र अंटार्क्टिका, आर्क्टिक, हिमालय आनी दक्षिण महासागर संशोधन आनी अभ्यास मोहिमांचें फुडारपण करता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/308

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.